Panaji

प्रादेशिक खबरो

06.11.2025 @ 7.20 PM

- वंदे मातरम ह्या राष्ट्रगीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्याच्या फांटभुयेर राश्टीय पांवड्यार वंदे मातरम ह्या राश्ट गीत रचनेचो दीस मनयतले
- उत्तर गोंय जिल्ह्याक धरती आभा जनभागीदारी अभियानाच्या फुडाकारान उत्कृश्ट कामगिरी करपी जिल्हो म्हूण आदर्श योगदान दिवपा खातीर मान्यतायेचें प्रमाणपत्र फावो जालां.
- गोंयांतल्या हॉस्पिटलांनी फावो त्यो सुविधा मेळोवन दिवपाखातीर गोंय सरकार यत्न करता अशे भलायकी मंत्री विश्र्वजीत राणे हांणी म्हणला
- खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय गोंयांत 8 ते 15 डिसेंबर मेरेन अखिल भारतिय नागरी सेवा फुटबॉल चॅम्पियन सर्तींचे आयोजन करतले

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रगीताक 150 वर्सां पुराय जाल्ल्याच्या फांटभुयेर राश्टीय पांवड्यार वंदे मातरम ह्या राश्ट गीत रचनेचो दीस मनवपाचो थारायला. तशेंच भाजपानुय हे फांटभुयेर गोंयात लेगीत 7 नोव्हेंबराक सकाळीं 11 वरांचेर सगळ्या भाजपाच्या कार्यालयांनी एकाच वेळार हें गीत गावपाच्या खासा कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी दील्या.वंदे मातरम ह्या गीतान भारतीयां मदल्या देश मोगाक उर्बा दीली.देशाच्या संस्कृती सयत, सैमीक गिरेस्तकाय आनी भुगोलीक महत्वाचे सोबीत वर्णन वंदे मातरम ह्या गीतान आसा.भारताच्या स्वातंत्र्य लढ्यात वंदे मातरमान सुटके झुजाऱ्यांमदी चेतना तयार केली आनी म्हणुनुच आयज देश स्वातंत्र्य जावन आयज आम्ही लोकशायेचे राज्य करपाक पावले अशे दामू नायक हांणी म्हणला.

उत्तर गोंय जिल्ह्याक धरती आभा जनभागीदारी अभियानाच्या फुडाकारान उत्कृश्ट कामगिरी करपी जिल्हो म्हूण आदर्श योगदान दिवपा खातीर मान्यतायेचें प्रमाणपत्र फावो जालां. देशभरांतली ही मोहीम आदिवासी समाजांक, खास करून पयसुल्ल्या वाठारांनी रावपाच्या सुवातींनी सशक्त करपाचो यत्न करता. हें प्रमाणपत्र भारत सरकाराच्या आदिवासी वेव्हार मंत्रालयाच्या सचीवान जारी केलां.

फाल्यां सकाळीं 9 वरा 50 मिनटाचेर सगल्या शाळांनी वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताचें सामुहीक गायन करचें अशें गोंय शिक्षण संचालनालयान मागला. अंदू वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सां पुराय जातात. बंकीम चंद्र चॅटर्जी हांणी ७ नोव्हेंबर १८७५ दिसा हें गीत बरयल्ले.ह्या घडणूकेक १५० वर्सां पुराय जाल्ल्यान हें गीताचे प्रस्तुतीकरण व्हडा प्रमाणांत जावंचे म्हूण ही कार्यावळ आंखल्या. ह्या गीताच्या सामुहीक गायनांत शिक्षकांनी, नागरिकांनी, विद्यार्थ्यांनी व्हड प्रमाणांत वांटो घेवचो अशें परिपत्रकांत म्हणलां. 7 नोव्हेंबर 2025 ते 7 नोव्हेंबर 2026 ह्या एका वर्साच्या काळांत अशे जायते कार्यक्रम घडोवन हाडटले अशेंय परिपत्रकांत म्हणलां.

गोंयांतल्या हॉस्पिटलांनी फावो त्यो सुविधा मेळोवन दिवपाखातीर गोंय सरकार यत्न करता. मडगावच्या दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलांत फुडल्या दोन ते तीन म्हयन्यात सगळयो सुविधा दिवन ते सुसज्ज करपाचो सरकाराचो प्रयत्न आसा अशे  भलायकी मंत्री विश्‍वजीत राणे हांणी म्हणला. हें हॉस्पिटल दक्षिण गोंयच्या लोकांचो आदार आसा हाची आमकां जाणविकाय आसा. अपघातांत बळी पडपी लोकां खातीर न्यूरोलॉजी, न्यूरो सर्जरी, आर्थोपेडिक्स आनी आपत्कालीन सेवा सुरु करपाखातीर पांच प्रस्ताव सादर केल्यात. काल जाल्ले मंत्रीमंडळ बसकेंत ह्या विशयाचेर चर्चा जाल्या अशें तांणी सांगलें. मालभाट-मडगावा  आयज अर्बन आयुष्मान भलायकी केंद्राचें उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले. ह्या वेळार भौशीक बांदकाम मंत्री आनी मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर, भलायकी खात्याच्यो संचालक डॉ.रूपा नायक आनी नगरसेवक तशेंच सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.
गोंयांतल्या हॉस्पिटलांच्या गरजेची वळेरी आमी तयार केल्या आनी गरजे प्रमाण हीं कामां हातांत घेतले. गोंयांत 17 वेलनेस केंद्रां आसात आनी त्या सगल्या केंद्रांनी अत्याधुनिक तपासणी मशीनां उपलब्ध करून दितले, जाका लागून मुळावे चांचणेचे अहवाल बेगोबेग मेळूंक शकतले अशें भलायकी मंत्री राणे हांणी सांगलें
दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलाचो दर्जो वाडोवपाच्या हेतान मुख्यमंत्र्या कडेन चर्चा जाल्या अशें भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगलें. एक म्हयन्या उपरांत हॉस्पिटलांतले कर्मचारी नेमपाचो निर्णय घेतला अशें तांणी सांगलें. मालभाटच्या ह्या भलायकी केंद्राचो फायदो थळाव्याक जातलो. मडगावात हे आदी मोतीडोंगर हांगा अशें केंद्र ह्याआदी सुरु केला. रोखडेच तिसरे केंद्र शिरवडे वाड्याचेर सूरु करतले अशे तांणी सांगले

राज्यांतली डम्प मालाचे पावणे खातीर सरकारान ह्यान पयलींच सुधारीत धोरण तयार केलां. जानेवारी सावन पावणेक सुरवात जातली अशी माहिती खण संचालक नारायण गाड दिली. राज्यांत खण वेवसाय नेटान सुरू जावचो, हे खातीर राज्य सरकार यत्न करता. ह्या यत्नाचो भाग म्हणून खण ब्लॉकाचो पावणी करपाची प्रक्रीया सुरू आसा. तशेंच खासगी जमिनींतल्या डम्पाची पावणी करपाकूय सरकारान मान्यताय दिल्या. खण ब्लॉकांतल्यान खनीज मालाचें उत्खनन आनी डम्प मालाचे निर्गतीक लागून खण वेवसाय व्हडा प्रमाणांत सुरू जावपाक मजत जातली. डम्पाचे पावणे खातीर शुल्कूय निश्चीत केलां.

पावणी जाल्ल्या १२ खण ब्लॉकां मदले ५ ब्लॉक सुरू जाल्यात.

राज्यांत वाडत आशिल्ल्या गुन्यांवां मदीं उत्तर आनी दक्षिण गोंयच्या जिल्लो दंडाधिकाऱ्यांक national security act ह्या कायद्या खाला अधिकार दिवन गोंय सरकारान राश्ट्रीय सुरक्षा कायदो (NSA ), 1980, तीन म्हयन्यां खातीर लागू केला. गृह खात्यान  बिरेस्तारा जारी केल्ल्या आदेशा प्रमाण जिल्लो दंडाधिकाऱ्यांक गरज दिसल्यार NSAच्या कलम 3 (2) खाला आपल्या अधिकारक्षेत्रांत अधिकार वापरूं येता. अधिकृत राजपत्रांत उजवाडाक येतकच हो आदेश लागू जातलो. तशेंच सरकारान NSA खाला सल्लागार मंडळ स्थापन केलां, ताचे अध्यक्षपद मुंबय उच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश न्यायाधीश उत्कर्ष बाकरे हांणी केला आनी तातूंत सायोनारा टेलेस लाड आनी वंदना तेंदुलकर वांगडी आसात.

दक्षिण गोंयांतल्यान आतामेरेन ३३२१ रान हक्क कायद्याखाला दाखल केल्ले दावे निकालात काडल्यात अशी माहिती  दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयांतल्यान दिल्या. दक्षिण गोंयची जिल्होधकारी एग्ना  क्लीटस हांच्या अध्यक्षतेखाला ही विशेष मोहिम सुरु आसा. आयज ह्या मोहिमेखाला काणकोण तालुक्याच्या रान हक्क दाव्याचेर मडगावच्या जिल्लोधिकारी कार्यालयांत चर्चा जाली. ह्या वेळार खोतीगांव, खोल आनी श्रीस्थळ वाठारांतल्यान आयिल्ल्या 409 दाव्यांची पळोवणी केली. क्लीटस हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले हे बसकेंत काणकोण तालुका उपविभाग समितीच्या  अधिकाऱ्यांनी वांटो घेतिल्ला.

गोंय सरकारचे कला आणि संस्कृती खाते ,माहिती आणि प्रसिद्धी खाते, गोय पर्यटन उदरगत महामंडळ आणि दीपावली उत्सव समिती विठ्ठलापूर साखळी, हांच्या जोडपालवान काल 4 नोव्हेंबराक विठ्ठलापूर साखळी हांगा राज्यस्तरीय त्रिपुरारी पौर्णिमा उत्सव मनयलो. या सुवाळ्यात सांजे स वरांचेर वाळवंटी न्हयच्या काठार दीपदान कार्यावळ जाली .उपरांत आठ वारांचेर आदी देव पांडुरंग ही गायनाची मैफल जाली .उपरांत वाळवंटी नदीच्या पात्रात राज्यस्तरीय नौकानयन सर्त जाली .त्याच प्रमाण पालखी उत्सव, त्रिपुरासुर वध अशो कार्यवळी जाल्यो. त्रिपुरारी पौर्णिमा उत्सवाक मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, मयेचे आमदार प्रेमेंद शेट, दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हजर आसले.

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय गोंयांत 8 ते 15 डिसेंबर मेरेन अखिल भारत नागरी सेवा फुटबॉल चॅम्पियन सर्तीचे आयोजन करतले. नागरी सेवा कर्मचाऱ्यांक ह्या सर्तीत वाटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर खात्यावतीन 10 आनी 11 नोव्हेंबराक सांताक्रुझ फुटबॉल मैदान, हांगा नागरी सेवा फुटबॉल पंगड निवड चाचणी आयोजीत केल्या. सरकारी खात्यांचे नियमीत कर्मचारी आशिल्ल्या इत्सुक खेळगड्यांनी खात्याच्या मुखेल्यान सय केल्ले वळखपत्र आनी खेळपाच्या सामाना सयत सकाळी 8.30 वरांचेर निवड चाचणेच्या थळार विभागीय खेळा आयोजक प्रकाश सतरकर हांचे कडेन संपर्क साधचो.

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यावतीन 1 आनी 2 डिसेंबराक दिसा कला अकादमी, पणजी हांगा 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे आयोजन करतले. ह्या वर्सा राज्य युवा महोत्सवाची संकल्पना विसकीत भारत, युवा नेतृत्व अशी आसा. ह्या महोत्सवात युवा कलाकारांक लोकनाच (पंगड), लोकनाच (सोलो), फोटोग्राफी, कथा लेखन, पोस्टर, पेंटिंग, वक्तृत्व, लोकगीत, लोकगीत (सोलो), रांगोळी अशां कला प्रकारांत आपली कला-कौशल्य दाखोवपाची संद मेळटली. तशेंच राज्य पांवड्यावयल्या जैतिवंतांक राष्ट्रीय युवा महोत्सव 2026 त राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाची संद मेळटली. राज्य युवा महोत्सवातल्या सर्तीनीं वाटो घेवपा खातीर युवकांची पिराय 15 ते 29 वर्सां मजगती आसपाक जाय म्हणजे 1 सप्टेंबर 2025 दिसा युवा कलाकाराची पिराय 15 वर्सां सकयल आनी 29 वर्सां परस चड आसपाक जायना.

शिक्षणीक संस्थां, युवा क्लब, संगीत संस्थां, नोंदणीकृत युवा पंगड आनी राज्य खात्यांचे पंगड आनी वैयक्तिक युवा कलाकारांची नोंदणी अर्ज, जल्म दाखलो, आधार कार्ड, बँक खात्याची म्हायती 23 नोव्हेंबर 2025 ऑनलायन धाडपाक जाय.

गोंयात 30 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेंबर मेरेन फिडे विश्वचषक 2025 सरत सुरु आसा जातुत संवसारांतले नामनेचे खेळगडे वाटेकार जालयात. हो खेळ पळोवपाक सगळ्या खातीर उक्तो आसा. तिकटा विशीची माहिती WORLDCUP2025.FIDE.COM चेर आसा. खेळा मोग्यांनी हाचो मुजरत लाव घेवचो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 32 डिग्री सेल्सिअस तर किमान २३.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी ह्ल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला